Panaji national 5.3.25 at 6.30pm

जयशकर 100

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी लंडनांतल्या 10 डावनिंग स्ट्रीट हांगा युनायटेड किंगडमाचे प्रधानमंत्री केयर स्टारमर हांची भेट घेवन द्विपक्षीय अर्थीक सहकार्याक मुखार व्हरप आनी लोकां मदीं आदान-प्रदान वाडोवपा विशी चर्चा केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, हाणी स्टारमर हांका शुभेच्छा दिल्या आनी स्टारमर हणी युक्रेन संघर्षार यूकेचो दृष्टिकोन सामायिक केला अशे बासके उपरांत डॉ. जयशंकर हाणी सोशल मिडियचेर सांगले. उपरांत डॉ. जयशंकर हांणी आपल्या ब्रिटनाचे समकक्ष परराश्ट्र सचीव डेव्हिड लॅमीची भेट घेवन मुखवेल्या चर्चे खातीर उमेद उक्तायली.. भारतांतल्या चेव्हेनिंग स्कॉलरांचीय ताणी लामी ह्यांचे वांगडा भेट घेतली. आमच्या प्रतिभेची आनी लोकां मदीं आदान-प्रदानाची ही स्पश्ट अभिव्यक्ती, आनी हे विद्वान भारत-ब्रिटन संबंदांचे व्हड समर्थक आसात हें निश्चीत अशें ताणी सांगलें.

बाघेल 115

सरकारी येवजण्यांची प्रत्यक्ष अंमलबजावणी करपाक ग्रामपंचायत प्रतिनिधी म्हत्वाचो खांबो आसा अशें पंचायती राज राज्यमंत्री प्रा.. एस. पी. सिंह बाघेल हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय अधिवेशनांत पंचायती राज मंत्रालयाच्या आदर्श बायलांक अनुकूल ग्राम पंचायत उपक्रमाची सुरवात करतना तांणी पंचायतींच्या कार्यपद्दतीचेर भर दिलो आनी सगल्या पंचायत प्रतिनिधींनी आपल्या वावरांत सगले नेम पाळचे अशें आवाहन केलें. हे वेळार उलयतना मंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें,की सरकारान उदरगतीची संकल्पना बदलल्या. आतां बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत हो सरकाराचो मुखेल उद्देश जावन आसा, जो 2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपाक योगदान दितलो अशें तिणें सांगलें.गोंयांतली जिल्लो पंचायत वांगडी अनिता थोरा हिणें आकाशवणीकडे उलयतना पंचायतींक आदार दिवपा खातीर सरकारान केल्ल्या उपक्रमांची

तोखणाय केली. आयचे कार्यशाळेंतल्यान सगल्या पंचायती वांगड्यांक मार्गदर्शन मेळटलें अशें तिणें सांगलें.

नीती 100

क्वांटम कॉम्प्युटिंगाची जलद उत्क्रांती आनी नवी दिल्लींतल्या राश्ट्रीय सुरक्षेचेर ताचे परिणाम हांचे विशीं नीती आयोगान आयज एक धोरणात्मक पेपर जाहीर केला. भारतीय डेटा सुरक्षा मंडळा वांगडा भागीदारी करून नीति फ्रंटियर टेक हब (नीती-एफटीएच) हांणी देशाचें फ्रंटियर टेक नेशनांत संक्रमणाक गती दिवपाच्या हेतान हो पेपर उजवाडायला. पेपर प्रकाशीत करतना नीती आयोगाचे सीईओ बी.व्ही.आर. सुब्रह्मण्यम हाणी देशाची पुराय क्षमता उक्ती करपा खातीर उदयाक येवपी तंत्रगिन्यानाक सक्रियपणान आपणावपाची गरज उक्तायली. तंत्रगिन्यानाच्या उदरगतींत भारताक मुखार दवरपा खातीर संशोधन, नवनिर्माण आनी जागतीक भागीदारींत धोरणात्मक गुंतवणूक म्हत्वाची थारतली अशें तांणी सांगलें. ह्या पेपरातली अंतर्दृष्टी विकसीत जावपी क्वांटम परिदृश्यांत भारताची धोरणात्मक तयारी आनी धोरण तयार करपाक बुन्याद म्हूण काम करतली.

IRFC 70

IRFC म्हळयार भारतीय रेल्वे वित्त म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक मनोज कुमार दुबे हांणी सांगलें की IRFC क मेळील्लो नवरत्न दर्जो हो कंपनीच्या अर्थीक बळग्याचें आनी रेल्वे मुळाव्या साधनसुविधां खातीर आदार दिवपाच्या वचनबद्धतेचें प्रतिबिंब आसा. नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना हे मान्यतायेक लागून कंपनीची क्षमता वाडिक आनी देशाच्या उदरगतींत चड अर्थपूर्ण योगदान दिवपाची प्रेरणा मेळ्ळी अशें तांणी सांगलें. आमच्या खबराकारान कळयल्ले प्रमाण सरकारान ह्या सप्तकाचे सुरवेक IRFC क नवरत्नाचो प्रदान केला

कॅबिनेट 140

सोनप्रयाग ते केदारनाथ मेरेन 12.9 किमी लांब विकासाक  सरकारान मान्यताय दिल्या. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,की ह्या प्रकल्पाचो वट्ट खर्च चार हजार कोटी रुपयां परस चड आसतलो. ह्या रोपवे वरवीं यात्रेकरुंचो प्रवास वेळ 8 ते 9 वरां वयल्यान 36 मिनटां मेरेन उणो जातलो. ह्या प्रकल्पाक लागून दिव्यांग  आनी जाण्ट्यांक व्हड मजत जातली अशें तांणी सांगलें.

हेमकुंड साहिब रोपवेचीय उदरगत जातली अशी म्हायती तांणी दिली. ह्या प्रकल्पाचो वट्ट खर्च 2,730 कोटी रुपया जातलो आनी रोपवेची लांबाय 12.4 किलोमीटर आसतली अशें तांणी सांगलें.

पशुधन भलायकी आनी रोग प्रतिबंध खातीर सरकारान 3,880 कोटी रुपया खर्च करपाचो निर्णय घेतला अशें वैष्णव हांणी सांगलें. लसीकरण कार्यावळ हो ह्या कार्यावळीचो एक मुखेल भाग आसतलो. ह्या प्रकल्पाक लागून शेतकारांक मजत जातली अशें तांणी सांगलें. पशुवैजकी वखदां वरवीं बऱ्या दर्जाचीं आनी परवडपी जेनेरिक पशुवैजकी वखदां दितले अशें तांणी सांगलें.